Ganesh

२०११ वर्सांचे जनगणने प्रमाण गोंयांत साक्षरतेचें प्रमाण ८८.७ टक्के आसा. देशांत साक्षरतेचें प्रमाण ७३ टक्के आसा. देशांचें तुळेंत गोंयांतलें साक्षरतेचें प्रमाण खूब चड आसा.

केंद्रीय अर्थसंकल्पा पयलीं अर्थीक सर्वेक्षणाचो अहवाल संसदेंत सादर केलो. ही म्हायती अर्थीक सर्वेक्षणाच्या अहवालांत दिल्या. शेजारच्या महाराष्ट्रांत साक्षरतेचें प्रमाण ८२.३ टक्के, जाल्यार कर्नाटकांत ७५.४ टक्के आसा.

गोंयचें साक्षरतेचें प्रमाण दर धा वर्सांनी वाडत रावलें. १९५१ वर्सा गोंयचें साक्षरतेचें प्रमाण २३.५ टक्के आशिल्लें. हाचे उपरांत १९६१ वर्सा ३५.४ टक्के, १९७१ वर्सा ५२ टक्के, १९८१ वर्सा ६५.७ टक्के, १९९१ वर्सा ७५.५ टक्के, २००१ वर्सा ८२ टक्के आशिल्लें आनी २०११ वर्सा ८८.७ टक्के जालें. राज्यांतलें साक्षरतेचें प्रमाण दशकां सावन वाडत आसा.

धोरणाच्या (एनईपी) कार्यवाही खातीर नवें शिक्षणीक वर्स 1 एप्रील सावन सुरू करपाचो इतिहासीक निर्णय शिक्षण खात्यान घेतला. यत्ता सवी ते धावी आनी बारावेचे वर्ग एप्रीलांत सकाळी 11.30 वरां मेरेन चलतले. 1 मे ते 3 जून मेरेन गिमाळी सुटी आसतली. उपरांत 4 जून सावन आदले लोवरी वर्ग सुरू जातले, शिक्षण संचालकान हे विशींचें परिपत्रक जारी केला.

Rajashri

नव्या राष्ट्रीय शिक्षण धोरणा प्रमाण सप्तकात शिकोषपाचीं 36 ते ३२ वयं जावप गरजेचीं. हीं वरां भरून येवपाक एक तर शिक्षणीक दीग वाडोवने पहटले पाशा शिकोवपार्थी वर्ग भरून का एप्रीलांत वर्ग चैवपाचो निर्ण अशी महापती सुत्रांनी दिली. एप्रीलान उबाळ्याचे प्रमाण चड आसता. हाचो विद्यार्थी तशेच शिक्षकांक शिकोवपाक त्रास जातलो, हाका लागून एप्रीलांत शिक्षणीक वर्ग सुरू करपाच्या निर्णयाचो फेरविचार जावचो, अशी मागणी अखील गोय माध्यमीक शिक्षक संघटणेन केल्या हे विशीचे निवेदन संघटणेची अध्यक्ष सुरज विक्टोरिया हांणी शिक्षण संचालकांक दिलां विद्यार्थी तशेच शिक्षकाक जूनां वर्ग सुरू करपाची सवंय जाल्या गोयांत उबाल्याचे प्रमाण चड आसता. वर्ग उबाऊ वाडलो जाल्यार शिकोवपाक आनी शिकपाक आस जाता. हाका ल जूनांत शिक्षणीक वर्स सुरू जावप हिताचें आसा, अशे विक्टोरिया होणी म्ह ह्या निवेदनाचो आमी विचार करतले एनईपी समितीच शिफारस क्ले जूनांत शिक्षणीक वर्स सुरू करपाचो निर्णय जाला. अर्श शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे होणी म्हणलो

Rajashri

शाळेतल्या सगळ्या वेव्हारां खातीर शिक्षण संचालनालयान आपार कार्ड विद्यार्थ्यां खातीर सक्तीचें केलां. शाळा बदलप, माधान्य आहार आनी हेर सरकारी येवजणेचो लाव आपार कार्डच्या माध्यमांतल्यानूच मेळटलो. देखून सगळ्या शाळांक विद्यार्थ्यांचें आपार कार्ड करपाक गती दिवपाचे निर्देश शिक्षण संचालनालयान दिल्यात.शिक्षण मळार

डिजिटायजेशन करपा खातीर गोंय सरकारान विद्यार्थ्यांक बारा अंकी अपार वळख पत्र दिवपाचें घोशीत केल्लें. विद्यार्थ्यांक एक डिजिटल वळख दिवन तांचो शिक्षणीक रेकोर्ड आनी तांचे प्रगतीचेर देखरेख दवरप हो ताचो हेतू आसा.शिक्षण खात्यान काडिल्ल्या परिपत्रकांत म्हणलां, अपार वळखपत्र ही विद्यार्थ्यांची मुळावी वळख म्हूण वापर करपाची मोख दवरून शाळा बदलप आनी स्थलांतर करपा खातीर अपार दाखोवप आतां सावन सक्तीचें आसा. तशेंच फुकट पाठ्य पुस्तकां, माधान्य आहार आनी हेर सरकारी लाव घेवपा खातीर आपार सक्तीचें आसतलें. देखून विद्यार्थ्यांचें अपार वळखपत्र तयार करपाचे प्रक्रियेक गती दिवपाची जापसालदारकी सगळ्या शाळेच्या मुखेल्यांनी घेवची, शिक्षक, विद्यार्थी आनी पालक हांकां ही म्हायती कळोवचे खातीर ह्या परिपत्रकाची एक प्रत शाळेच्या नोटीस बोर्डार दिसता तशी लावची, अशे निर्देश शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी दिल्यात.

Santosh

वेर्णा ते अंतरराष्ट्रिय विमानतळ मेरेन पुलाचें काम करताना दाबोळे हांगा जमनी पोंदची तेल पुरवण करपी पायप लायन फोडिल्ल्यान त्या सुवाते वयलें काम बंद दवरू येरादारी मार्ग बदलचो पडलो. पंपिंग सुरू नाशिल्ल्या हुसको करपा सारकें तशें कांयच घडले ना. पायप लायनीचो मार्ग दाखोवन लोगित कोत्रादारान तातुंत लक्ष घालें ना असो दावो झुआरी इंडियन ऑयल कांपनीच्या अधिकाऱ्यांनी केला. फुडल्या तीन दिसां भितर हें काम पुराय जातलें म्हणपाची म्हायती कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी दिल्या.

Rajashri

आयटीआयच्या विद्यार्थ्यां धावी वा बारावेच्या समांतर दर्जाची शिक्षणीक पात्रताय दिवपा विशीं विचार चालू आशिल्ल्याचें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. बिरेस्तारा पणजे, दिवचले, फार्मागुडी, वास्को, काकोडें आनी म्हापश्यां उबारपी सेंटर ऑफ एक्सलंसाच्या व्हर्चुअल बुन्यादी फातर बसोवपाच्या सुवाळ्यांत ते उलयताले. ह्या वेळार शिक्षण सचीव प्रसाद लोलयेंकार, संचालक एस. एस. गांवकार आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले.आठवी आनी धावी पास आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांनी एका वर्साचो आयटीआय अभ्यासक्रम पुराय करचो. ताची शिक्षणीक पात्रताय धावेच्या समांतर दर्जाची समजतले. हाचे खातीर शिक्षण खात्या कडल्यान बेगिनूच आदेश काडटले. सरकारी कार्यालयांत एमटीएस पदां खातीर धावी पास जावप गरजेचें आसता. नवे नेम आयले उपरांत धावेंत नापास जाल्ले, मात आयटीआय जाल्ले विद्यार्थीय सरकारी खात्या पदां खातीर अर्ज करपाक शकतले, अशेंय मुख्यमंत्र्यान मुखार सांगलें.

धावी पास जाल्ल्या विद्यार्थ्यांन दोन वर्साचो आयटीआय अभ्यासक्रम पुराय केल्यार ताची शिक्षणीक पात्रताय बारावेच्या समान दर्जाची गृहीत धरतले. त्या विद्यार्थ्याक सध्याच्या नेमां प्रमाण शालांत मंडळाच्या दोन भाशेच्या विशयांची परिक्षा 'दिंवची पडची ना, तो विद्यार्थी बारावी पास आसा अशें समजतले. हाचे खातीर अभ्यासक्रमांत कांय बदल करचो पडटलो. या विद्यार्थ्यांक बीए वा बीकॉमा खातीरूय प्रवेश

घेवपाक मेळटलो. फुडल्या वर्सा सावन हाची अंमलबजावणी जातली, अशें मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी सांगलें.

Rajashri

मणिपाल हॉस्पिटलांत ब्रेन डेड आशिल्ल्या दुर्येतीचे घरकान्नीन दुर्येतीचे अवयव दान करपाचो निर्णय घेतिल्ल्यान तीग जाणांक जिवदान मेळले, ते प्रमाण राज्य अवयव आनी पेसी प्रत्यारोपण संस्थेन (सोटो) गोंय वैजकी म्हाविद्यालय (गोमॅकॉ), हेल्थवेच्या गरजेवंत दुयेंतीक दरेकी एक किडणी, तशेंच इंदोरांतल्या हॉस्पिटलांत भरती आशिल्ल्या दुयेतीक फिग्द दान करपाची परवानगी दिली. अवयव दान प्रक्रिया जलद गतीन करचे खातीर गोंय पुलिसांनी तीन ग्रीन कॉरिडॉर तयार केल्ले.

Rajashri

कोकणी कथा समेलनाचे उक्ताव करता हेमा नायक यांगडा को प्रकाश पर्वकार रामनाथ पावडे हनुमंत चोपकार, सानिका पांवकार, राणी कामत आनी साहित्य म्हशाळेच्या कोकणी अध्ययन फांट्याचे संचालक डॉ हनुमंत चोपडेकार, संमेलनाची कार्याध्यक्ष सहायक प्राध्यापक सानिका गांवकार आनी कोंकणी सरस्त मंडळाची अध्यक्ष राणी कामत हजर आशिल्लीहे निमतान कोंकणी अध्ययन कोल्यान युवा कोकणी कथाकारांच्या कथा झेल्याचे लोकार्पण जाले तशेच संपदा सवासे हांचो 'अमुल्य देणे' हो कथा झेलो उजवाडाक हाडलो हेमा नायक होणी सांगले

आगी विश्वव्यापी जाल्यात इंटरनेट वरती रचना संवसारभर पावपाक लागल्यात आनी हेर भाशांतल्यान अणकार जावपाक लागल्यात हातूंत लेखकांक वेगळेपण राखपाचे आसल्यार आपली नवर विस्तृत ववरची पडटली 50 वर्साच्या काळांत चलत, धेपां भारीत कोंकणीच्या पठार इतली उदरगत जाली आपणा काव्य नमस्था भेडूक नात तांभी पुस्तकां अजून उपलब्ध आसात तांचे मार्गदर्शन आमको घेवपाक मेळटले अस उलो नायक होणी भारलो